Panaji National 2nd September 2025 8.40am

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत यशोभूमिंत सेमीकॉन इंडिया - 2025 चें उक्तावण करतले.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज व्हिडियो कॉन्फरन्सिंग वरवीं बिहार राज्य जीविका निधी साख सहकारी संघ लिमिटेडचे शुभारंभ करतले.
- संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या चीन भेटीची तोखणाय केल्या, संवसारीक मळार भारताची राजनयिक आनी धोरणात्मक उपस्थिती घटमूट करपाचें म्हत्वाचें पावल अशें म्हणलां.
- युनिफायड पेमेंट्स इंटरफेस, यूपीआयन अंदू वर्सा ऑगस्ट म्हयन्यांत पयलेच खेपे वीस अब्ज मायज वेव्हार करून नवो विक्रम प्रस्थापित केला.
- फुडल्या वर्सा ऑगस्टांत नवी दिल्लींत बॅडमिंटन संवसारीक सर्त जातली.

PM Semicon – 110

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत यशोभूमिंत सेमीकॉन इंडिया - 2025 चें उक्तावण करतले. तीन दिसांच्या परिशदेंत देशांत घटमूट, लवचीक आनी शाश्वत सेमीकंडक्टर परिसंस्थेक प्रोत्साहन दिवपाचेर भर दितले. हातूंत सेमिकॉन इंडिया कार्यावळीची प्रगती, स्मार्ट मैन्युफैक्चरिंग, संशोधन आणि विकास आणि बुध्दीमत्तेंत नवनिर्माण, गुंतवणूक संदी, राज्य पांवड्याचेर धोरणांची अंमलबजावणी आनी हेर विशयांचेर सत्रां आसतलीं. प्रधानमंत्री बुधवारा परिशदेंतय वांटो घेतले, जातूंत सीईओ गोलमेज परिशदेंत ते वांटो घेतले. ह्या परिशदेंत वीस हजारा वयर सहभागी उपस्थित आसतले, हातूंत ४८ मायज देशांतले २ हजार ५०० परस चड प्रतिनिधी आसतले. 6 देशांच्यो गोलमेज चर्चा, देशांची पॅव्हिलियन्स, तसेच कामगार विकास आणि स्टार्टअप्स खातीर समर्पित खासा पॅव्हिलियन्स हांचोय आस्पाव आसा. सेमीकंडक्टर क्षेत्रातली तांत्रिक प्रगती आणि वेग वेगळ्या देशांच्या सेमीकंडक्टर परिसंस्थेक बळकट करपाच्या धोरणांचो चडांत चड प्रचार करप हे जागतिक स्तराचेर आयोजित सेमिकॉन परिषदांचे उद्दिष्ट आसा.

PM SCO – 40
शांघाय सहकार संघटनेच्या देशांक सगल्या प्रकारच्या आतंकवादाचेर निर्णायक कारवाय करपाचे आवाहन प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी केला. चीनांतल्या तियानजिनांत जाल्ल्या शांघाय सहकार संघटनेच्या (एससीओ) शिखर सभेंत मोदी हांणी वांगडी देशांक सीमापार आतंकवादाक प्रोत्साहन दिवपी आनी आदार दिवपी देशांक जापसालदार धरपाक सांगलें.

PM Bihar – 50
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज व्हिडियो कॉन्फरन्सिंग वरवीं  बिहार राज्य जीविका निधी साख सहकारी संघ लिमिटेडचे शुभारंभ  करतले. ह्या उपक्रमाक लागून गांवगिऱ्या बायलां मदीं उद्योजकता विकासाक चालना मेळटली आनी समुदाय आदारीत उद्देगांची वाड वेगान जातली अशी अपेक्षा आसा. ह्या वेळार प्रधानमंत्री संस्थेच्या बँक खात्यात १०५ कोटी  हस्तांतरीत करतले.

PLI – 55
उद्देगीक भागधारकांकडल्यान व्हड प्रमाणांत प्रतिसाद मेळ्ळया उपरांत सरकारान वस्त्रोद्योगाखातीर उत्पादन संलग्न प्रोत्साहन (पीएलआय) येवजणे खातीर अर्ज करपाची मुजत वाडयल्या.आतां हे येवजणे खातीर अर्ज करपाची तारीक 30 सप्टेंबर मेरेन उक्ती उरतली. फाटल्या म्हयन्यांत वेगवेगळ्या कापड क्षेत्रांतल्यान 22 नवे अर्ज आयल्यात अशें कापड मंत्रालयान सांगलें. संभाव्य गुंतवणूकदारांक हे येवजणेचो फायदो घेवपाची आनीक एक संद सरकारान दिल्या.

Rajnath – 65
संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी  प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या चीन भेटीची तोखणाय केल्या, संवसारीक मळार भारताची राजनयिक आनी धोरणात्मक उपस्थिती घटमूट करपाचें म्हत्वाचें पावल अशें म्हणलां. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत सिंग हांणी सांगलें, प्रधानमंत्र्यांची यशस्वी चीन भोवंडी तांच्या राजनैतिक कौशल्याचा आणि भू-राजकीय परिस्थितींक  आकार दिवपाच्या आणि पुनर्संतुलित करपाच्या भारताच्या क्षमतेचो पुरावो आसा. प्रधानमंत्र्याचे भेटेक लागून शांघाय सहकार संघटने कडेन भारताचे संबंद घटमूठ जाल्यात अशें तांणी सांगलें.

Singapore PM – 60

सिंगापोरचे प्रधानमंत्री लॉरेन्स वोंग आयज सांजवेळा भारतांत पावतले. वोंग प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे कडेन द्विपक्षीय उलोवणी करतले आनी भारतीय उद्देजक आनी वेवसायीक फुडाऱ्यां कडेन संवाद सादतले. ह्या भेटी वेळार कुशळटाय उदरगत, अर्थ आनी डिजिटल, नागरी विमानन, अंतरिक्ष आनी जहाज येरादारी क्षेत्रांतल्या सहकार्या विशीं जायत्यो करार जावपाची शक्यताय आसा. मोदी आनी वोंग हांणी फाटल्या वर्सा सप्टेंबरांत सिंगापोरांत जाल्ले बसकेंत द्विपक्षीय संबंद वाडोवपाचें मान्य केल्लें.

UPI – 65

युनिफायड पेमेंट्स इंटरफेस, यूपीआयन अंदूं वर्सा ऑगस्ट म्हयन्यांत पयलेच खेपे वीस अब्ज मायज वेव्हार करून नवो विक्रम प्रस्थापित केला. भारतीय नॅशनल पेमेंट्स कॉर्पोरेशनाच्या म्हणण्या प्रमाण वट्ट वेव्हारांची संख्या 20 अब्ज परस चड आशिललि. फाटल्या वर्सा ऑगस्टांत 14 अब्ज 90 कोटी परस हें 34 टक्क्यांनी चड आसा. तशेंच अंदूं ऑगस्टांत युपीआयन 24 लाख 85 हजार कोटी रुपयांचे वेव्हार केल्यात. हाचे वयल्यान वर्सुकी 24 टक्क्यांनी वाड दिसून येता.

GST – 50

भारतांत माल आनी सेवा कर (जीएसटी) संकलन फाटल्या वर्साच्या याच म्हयन्याच्या तुळेंत अंदूं ऑगस्टांत 6.5 टक्क्यांनी वाडून एक लाख 86 हजार कोटी रुपया परस चड जाला. अर्थ मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण सकल घरेलू येणावळ सुमार एक लाख 37 हजार कोटी रुपया जाल्या, जाल्यार एकूण आयात येणावळ 49 हजार कोटी रुपयां परस चड आसा.

Rijiju – 40

चालू वित्तीय वर्साच्या पयल्या तिमाहींत देशांतल्या सकल घरेलू उत्पादनांत 7.8 टक्क्यांनी अदभूत वाड जाल्या अशें केंद्रीय मंत्री किरेन रिजिजू हांणी सांगलां. हाचे वयल्यान देशाची अर्थवेवस्था प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी परस बरे तरेन कोणूच सांबाळूंक शकना हें सिध्द जाता अशे तांणी म्हळें.

Scindia – 50

केंद्रीय संचारण मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हांणी काल नवी दिल्लींत इंडिया मोबायल कॉंग्रेस-आयएमसी-25 ॲप सुरू केलो.कृत्रीम बुध्दीमत्तेचेर आदारीत सुचोवण्यो, घटमूट नेटवर्किंग आनी परस्पर संवादात्मक तथ्यां सयत, इंडिया मोबायल कॉंग्रेस प्रदर्शनांत वापरप्यांचो अणभव वाडोवपाचो ह्या ॲपाचो हेत आसा.ह्या वेळार उलयतना सिंडिया हांणी सांगलें, संवसारीक जोडणी खातीर दूरसंचार क्षेत्र एक मुखेल वाहन जालां.

Punjab – 35

पंजाबांत हुंवाराक लागून 1 ऑगस्टा सावन आतां मेरेन 29 जाणांक मरण आयला. सगळ्या १२ प्रभावित जिल्ह्यांनि जीवितहानी जाल्या. आमच्या जालंधर प्रतिनिधीन दिलल्या माहिती प्रमाण, २.४६ लाखां वयर लोक प्रभावित जाल्यात, त्यापैकी १.४५ लाख जाण फक्त गुरुदासपूरात आसात.

PM Punjab –45

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल पंजाबाचे मुख्यमंत्री भगवंत मान हांचे कडेन उलयले आनी पंजाबांत पावस आनी हुंवाराक लागून उप्राशिल्ल्या परिस्थितीचेर भासाभास केली. सरकारी सूत्रांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण चीनांतल्यान दिल्लींत पावल्या उपरांत रोखडेंच मोदी हांणी पंजाबाच्या मुख्यमंत्र्यांक फोन केलो आनी राज्याक सगली मजत आनी आदार दिवपाचे आश्वासन दिले.

IMD - 30

हवामान खात्यान आयज दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, छत्तीसगड, उदेंत राजस्थान, गंगेटिक अस्तंत बंगाल, हिमाचल प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, ओडिशा, पंजाब, उत्तराखंड आनी उत्तर प्रदेशात काय सुवातींनी घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

Haryana rains – 75

मुसळधार पावसाच्या शिटकावणीच्या फाटभुयेर हरियाणा सरकारान सगल्या क्षेत्रीय अधिकाऱ्यांक 5 सप्टेंबर मेरेन मुखेल कार्यालयांत रावपाचो आनी कडक दक्षता घेवपाचो निर्देश दिला. येता त्या दिसांनी राज्यांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी उटनगराचो पावस पडटलो अशी शिटकावणी हवामान खात्यान दिल्ल्यान राज्यभरांतल्या पुलीस आनी प्रशासनाक सतर्क केला अशें मुख्य सचीव अनुराग रस्तोगी हांणी काल सांगलें. पावसाक लागून हुंवार येवपाचोय अदमास आसा. ह्या काळांत खंयच्याच अधिकाऱ्याक मुखेल सचीव वा गृह खात्याच्या अतिरिक्त मुखेल सचीव हांच्या परवानगीशिवाय सुटी दिवची न्हय अशें रस्तोगी हांणी सांगलें.

Badminton – 40

फुडल्या वर्सा ऑगस्टांत नवी दिल्लींत बॅडमिंटन संवसारीक सर्त जातली. काल पॅरिसांत जाल्ल्या 2025 वर्साच्या चॅम्पियनशिपाच्या समारोप सुवाळ्यांत बॅडमिंटन वर्ल्ड फेडरेशन-बीडब्ल्यूएफान ही घोशणा केल्या. ही सर्त भारतांत 17 वर्सां उपरांत आनी आशियांत चार वर्सां उपरांत जाता. 2009 वर्सा ही सर्त हैदराबादांत जाल्ली.